Sitharaman ITI – 80

राज्यांतल्या उद्देगीक प्रशिक्षण संस्थां ।TI चे एआय संचालीत प्रशिक्षण केंद्रांत रुपांतर करपा खातीर केंद्र पुराय अर्थीक आदार दितलें अशें केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सांगलां. त्यो आयज नवी दिल्लींत इंडियन फावंडेशन फॉर क्वालिटी मॅनेजमेंटाच्या वर्सुकी परिसंवादांत उलयतालयो. तिणें सांगलें, उद्देगधंद्यांची बदलपी गरजो भागोवपा खातीर आयटीआय अपग्रेड करतात. फाटल्या दोन ते तीन वर्सुकी अर्थसंकल्पांत सरकारान कामगारांक कुशळ करपाची तजवीज केल्या अशें सीतारामन हांणी सांगलें. BYTE

देशांतल्या तरणाट्यांची कुशळटाय वाडोवपा खातीर सरकारा बरोबर काम करचे अशे आवाहन तांणी उद्योगांक केले.

------------------------------

Vaishnaw GST reforms – 60

आयकर कायदो आनी माल आनी सेवा करांत म्हत्वाची सुदारणा केल्या अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी सांगलां. ते नवी दिल्लींत जाल्ल्या PAFI वर्सुकी मंच 2025त उलयताले. जीएसटीची रचना ज्या पद्धतीन केल्या, ताका लागून दिसपट्ट्यो घरगुती वस्तू आनी शेतकी उत्पादनां आनीकूय किफायती जातली, अशे तांणी म्हळें. जेन्ना वस्तूंचे दर उणे जातले तेन्ना मागणीय व्हड प्रमाणांत वाडतली अशें तांणी सांगलें.

BYTE

-----------------------------

CEA Finance – 80

फाटल्या स वर्सांत भारतांत विक्रमी अर्थीक उदरगत दिसून आयल्या. केंद्रीय अर्थ मंत्रालयाचे मुखेल अर्थीक सल्लागार डॉ व्ही अनंत नागेश्वरन हांणी आयज कोलकातात भारत चेंबर ऑफ कॉमर्सच्या १२५ व्या 125व्या स्थापन दिसा निमतान एका कार्यावळींत सांगलें. आयएमएफच्या अदमासा प्रमाण 2027-28 वर्सा भारतीय अर्थवेवस्थेचें प्रमाण 5 लाख कोटी अमेरिकन डॉलर आसतलें अशें डॉ व्ही अनंत नागेश्वरन हांणी सांगलें.ह्या अर्थीक वर्साच्या पयल्या तिमाहींत जीडीपी वाड फुडल्या तिमाहींतय तशीच आसपाची अपेक्षा आसा अशें तांणी सांगलें.जुलय आनी ऑगस्ट म्हयन्यांतली मुळावी अर्थीक परिस्थिती ताचो संकेत दिता.

BJP Rahul – 40

काँग्रेस फुडारी राहुल गांधी हाणी वेंचणूक आयोगाचेर परत परत चुकीचे आनी निराधार आरोप केल्यात असो आरोप भाजपान केला. नवी दिल्लींत पक्ष मुख्यालयात पत्रकार परिशदेंत उलयतना भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी अनुराग ठाकुर

हांणी सांगलें, खंयच्याय वांगड्याक ऑनलायन वोट डिलीट करपाक मेळनात अशें आयोगान स्पश्टपणान सांगलां.

Uttarkhand – 60

उत्तराखंडांतल्या चामोली जिल्ह्यांत काल रातीं उसरां पडिल्ल्या उटनगराच्या पावसाक लागून व्हड प्रमाणांत लुकसाण जाल्ल्याची म्हायती मेळ्ळ्या. नंदनगर वाठारांतल्या चार गांवांक सगळ्यांत चड मार बसला. चवदा जाण बेपत्ता आसात, आनी सुमार वीस जाण जखमी जाल्यात.

मुख्यमंत्री पुष्कर सिंग धामी हांणी आपत्ती वेवस्थापन सचीव विनोद कुमार सुमन हांचे बरोबर परिस्थितीचो नियाळ घेतलो आनी बेगोबेग मदत आनी बचाव कार्यावळींचे निर्देश दिले.

IMD – 30

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन ते तीन दिसांत ईशान्य राज्यांच्या कांय भागांनि बिहार, उत्तर प्रदेश, उत्तराखंड, मध्य महाराष्ट्र आनी उप हिमालयन अस्तंत बंगालात काय सुवातींनी उटनगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

Asia Cup – 50

आशिया टी-२० कप क्रिकेट सर्तींत, आज सांजवेळार अबू धाबीत, ग्रुप बी च्या एका महत्त्वाच्या मॅचीत अफगाणिस्तानचा श्रीलंके आड खेळटलो. हा खेळ भारतीय वेळे प्रमाण रातचो ८ क सुरू जातलो.

फाल्यां अबू धाबीच्या शेख झायेद स्टेडियमाचेर अ गटांतल्या निमाण्या मॅचींत भारत ओमान आड खेळटलो. सांजवेळा आठ वरांचेर मॅच सुरू जातली.

Stocks – 30

मुखेल घरेलू बाजार सूचकांक सेंसेक्स आनी निफ्टी आज सुरवातेक नेटान उक्ते जाले, पूण दनपारां वेपारांत ही गती उणी जाली. अशें आसून लेगीत आयज बाजारांत सुमार 0.4 टक्क्यांनी वाड जाल्या.